# प्रादेशिक खबरो 26.03.2026 @ 7.25 am

RASHMI 110

LPG gas cylinder चो राज्यात मुबलक साठो आसा तशेच गाडयांच्या पेत्रोलाचो फुडल्या आठ दीसाचो मुबलक इंधन साठो आसा. लोकांनी petrol पंपाचेर रांको करच्यो न्ही . commercial gas cylinder quota आजच्यान 20% वेल्यान 40% वाडयतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत दीली .**Byte: cm**

'मझे घर' येवजणे खाला अर्ज सादर करपा खातीरची मुजत एक वर्स वाडोवप म्हणल्यारूच मार्च 2027 मेरेन करपाचो निर्णय आयज मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दीली.

तिवरे-वर्गांव पंचायत कार्यालय आशिल्ल्या जाग्या खातीर भाडें माफ करपाचो निर्णय लेगीत ह्या बसकेत जाला.सांखळी मतदारसंघांतल्या दक्षिण म्हावळिंगे हांगा कलम 39 (अ) खाला सुमार 80 हजार चौखण मिटर जमनीचो वाठार बदलपाचो प्रस्ताव रद्द जातलो. मुख्यमंत्र्यान हे विशीं नगर नियोजन मंत्रीक सुचोवण्यो जारी केल्यात.

DIP 90

गोंयचे राज्यपाल पूसापति अशोक गजपती राजू हांणी राम नवमीच्या शुभ निमतान गोंयच्या लोकांक उर्बे भरीत परबीं दिल्या.राम नवमीच्या शुभ निमतान गोंयच्या लोकांक हांव उर्बे भरीत परबीं दितां. हो पवित्र उत्सव धर्म, सद्गुण, करुणा आनी आदर्श राजा हांचे मूर्त श्री राम हाच्या जल्माचें प्रतीक आसा. भगवान श्री राम हांका मर्यादा पुरुषोत्तम म्हणून वळखतात. रामाचें जिवीत आमकां आमच्या दिसपट्ट्या जिणेंत सत्य, न्याय, मनीसपण आनी देवाची भक्ती ह्यो मुल्यां पाळपाची प्रेरणा दिता अशे आपल्या संदेशांत राज्यपालानी म्हळा. राम नवमीचो हो उत्सव आमकां सगळ्यांक सुख, बरी भलायकी आनी समृध्दी हाडून आमकां सत्याच्या मार्गाचेर मार्गदर्शन करूं, अशें राज्यपालानी आपल्या संदेशांत मुखार म्हळा.

गणेश 60

नगरपालिका प्रभाग दिवचल, पेडणें, वाळपय, कुंकळ्ळी, कुडचडें - काकोडें, काणकोण, म्हापशें, मुरगांव, मडगांव, सांगें आनी केपें ह्या 11 नगरपालिकांची वेंचणूक मे म्हयन्यांत जातली.

वेंचणूक जावपी 11 नगरपालिकांच्या प्रभागांचो आंकडो निश्चीत जाला. हे विशींचो आदेश राज्य वेंचणूक आयुक्त मिनीन डिसोझा हांणी जारी केला. एसआयआर मोहीमे उपरांत सगल्या पालिकांच्या मतदारांचो आंकडो उणो जाला. हाका लागून मुरगांव आनी मडगांव नगरपालिका प्रभागांचो आंकडो उणो जालो. हेर नगरपालिकांनी पयली इतलेच प्रभाग आसात

सुशांत 60

गोयच्या तियात्र मळार नामना जोडपी म्हालगडे तियात्रिस्त सी. डिसिल्वा हे आज आपले पिरायेची 90 वर्सां पुराय करतात. ते खातीर गोवा तियात्र अकादमीवतीन तांचो मडगाव हांगाच्या रवींद्र भवनात जाहीर भोवमान कारपाचे थारायला तशेच ह्या वेळार मिनीन द बांदार आणि एडविन डिकॉस्टा हांचोय भोवमान करतले अशी माहिती गोवा तियात्र अकादमीचे अध्यक्ष अँथनी बार्बोजा हाणी दिली. भौशिक बांधकाम मंत्री दिगंबर कामत हे ह्या वेळार मुखेल सोयरे म्हणून हाजीर आसतले.

रश्मी 70

वंदे मातरम ह्या राष्ट्रीय गीताक १५० वर्सां पुराय जावपाच्या इतीहासीक खिणा निमतान सरकारी कार्यालयां तशेंच शिक्षणीक संस्थांनी पुराय वंदे मातरमचे सामुहीक गायन जालें.
Byte : vande matar

मजगती माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान सांगला की, स कडव्यांच्या राष्ट्रगीता संदर्भात गृह मंत्रालयाच्या हालीच्या मार्गदर्शक तत्त्वां प्रमाण आकाशवाणी आज सावन आपल्या सकाळच्या प्रसारणाची सुरुवात राष्ट्रगीत 'वंदे मातरम'च्या पुराय आवृत्तीन करतली. हरशी स्वातंत्र्यापासून, आकाशवाणी आपल्या केंद्राचेर सकाळच्या प्रसारणाची सुरुवात त्यांच्या प्रतिष्ठित सिग्नेचर ट्यूनान आणि उपरांत 'वंदे मातरम'च्या दोन कडव्यांच्या आवृत्तीन करपाची परंपरा आसा.

महेश 50

गिरायक संरक्षणाच्या एका व्हड निर्णयांत केंद्रीय गिरायक संरक्षण प्राधिकरणान हॉटेल आनी रेस्टॉरंटांक बिलांत ‘एलपीजी शुल्क’ वा ‘इंधन अधिभार’ सारकिले अतिरिक्त शुल्क घेवपाक बंदी घालपी नोटीस जारी केल्या.  खूपशी आस्थापना मेन्यूमधल्यो  किमती आणि करांव्यतिरिक्त हे शुल्क आकारताली जाका लागुन पारदर्शकतेचो उणाव  निर्माण जातालो आनी गिरायकांक चड खर्च करपाक लागताले अशें प्राधिकरणान नोंद केला

स्पोर्ट्स 50

16 ते 22 एप्रील 2026 मेरेन दिल्लीच्या थ्यागराज स्टेडियमांत जावपी 69व्या राष्ट्रीय शाळा खेळां सर्ती खातीर गोवा राज्य पंगडाक वांटो घेवपा खातीर खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालय टेबल टेनिस अंडर-14 चले आनी चलयां मदीं निवड चांचणी करतले. निवड चांचण्यो 30 मार्च क   इंडोर हॉल कंपाल सकाळीं 9.30 ते 10.30 मेरेन जातल्यो.

वेदर 20

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले प्रमाण गोयात कमाल तापमान ३३. ६अंश celcius जाल्यार किमान तापमान २४.४ अंश celcius नोंद जाला.